Aakashwani Panaji National news 7.40 am 24 February 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहारांतल्या भागलपूरांतल्यान प्रधानमंत्री किसान सम्मान निधी (पीएम-किसान) येवजणेचो 19वो हप्तो जाहिर करतले . हे येवजणेंतल्यान जमनीचेर आशिल्ल्या शेतकारांक वर्साक स हजार रुपया तीन हप्त्यांनी दितात. तशेंच देशभरांतल्या 731 कृशी विज्ञान केंद्रांनी कार्यावळी घडोवन हाडटले आनी सुमार अडेज कोटी शेतकार भौतिक वा आभासी रितीन कार्यावळींत वाटो घेतले. कार्यावळीचो तपशील सांगतना केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी , केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या येवजण्यां विशीं जागृताय निर्माण करपा खातीर हो दीस किसान सम्मान समारोह म्हणून मनयतले आशे सांगले . तांणी , देशभरांतल्या 9.8 कोटी परस चड शेतकारांक थेट फायदो स्थलांतररांतल्यान 22 हजार कोटी रुपयां परस चड अर्थीक मजत मेळटली. पीएम-किसान येवजणे खाला देशांतल्या 11 कोटी परस चड शेतकार कुटुंबांक आतां मेरेन 3.46 लाख कोटी रुपया परस चड पयशे वितरीत जाल्यात आशे तांणी सांगलें. भागलपूरात मार्गदर्शना वेळार प्रधानमंत्री शेतकारां कडेनय संवाद सादतले. तशेंच ह्या निमतान शेतकारांक संबंदीत कितल्याशाच येवजण्यांचें उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री मोदी मोतिहारी हांगा गोकुल मिशनाच्या खाला देशी जातींच्या पशुधनाच्या प्रजनना खातीर उत्कृश्टताय केंद्राचें उक्तावण करतले. तशेंच बिहारांतल्या बरौनी हांगा दुदाची प्रक्रिया युनिट समर्पीत करतले. तशेंच नवादा -वारिसलीगंज-तिलयाचो नवो दुप्पट केल्लो रेल्वे विभाग प्रधानमंत्री राष्ट्राक समर्पित करतले.

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज भोपाळांत जावपी ग्लोबल इन्व्हेस्टर्स समिट (जीआयएस) उक्तावण करतले. मध्य प्रदेशाची राजधानी कालियासोत धरणा लागसार बांदिल्ल्या नव्यान उक्तावण जाल्ल्या तंबू शारांत संवसारभरांतल्या शेंकड्यांनी सोयरे येजमानकी उपासतिथ आसतले. दोन दिसांच्या शिखर सभेंत फार्मा आनी वैजकी उपकरणां, येरादारी आनी रसद, उद्देग, कुशळटाय उदरगत, पर्यटन आनी एमएसएमई सयत हेर विशयांचेर विभागीय शिखर सभा आनी खाशेले सत्र जातलें. तशेंच जागतीक दक्षिण देश परिशद, लॅटीन अमेरिकेंत आनी कॅरिबियन सत्रां सारकिलीं आंतरराष्ट्रीय सत्रां आनी मुखेल भागीदार देशां खातीर खाशेले सत्र आसपावीत करतले. ह्या शिखर सभेंत तीन व्हड उद्देगीक

प्रदर्शनां जातलीं. ऑटो शो, textile आनी फॅशन एक्स्पो आनी “एक जिल्लो-एक उत्पादन” (ओडीओपी) गांव.

दिल्लीचे आठवे विधानसभेचें पयलें अधिवेशन आयज सुरू जातलें. सभाघरांतल्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांक अधिवेशनाच्या पयल्या दिसा सोपूत दितले. विधानसभेच्या अध्यक्षाचीय वेंचणूक आयज जातली. अधिवेशनाच्या दुसऱ्या दिसा दिल्लीचे लेफ्टनंट गव्हर्नर विनय कुमार सक्सेना सभाघरांत मार्गदर्शन करतले आनी फाटल्या सरकाराच्या वावरा संबंदीत अहवालूय सादर करतले.मजगतीं, दिल्ली एलजी विनय कुमार सक्सेना हाणी आमदार अरविंदर सिंग लवलीची प्रो टेम स्पीकर म्हणून नेमणूक केल्या. सिंग नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारांक सोपूत दितले. विधीमंडळ पक्षाचे बसके उपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना दिल्लीचयो मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांणी , cag अहवाल मांडप हें विधानसभा अधिवेशनाचें सगळ्यांत म्हत्वाचें आंग आसतलें आशे ताणी सांगले

---

भारत-फ्रान्स संरक्षण सहकार्य वाडोवपाच्या प्रयत्नांचा एक भाग म्हणून लष्करमुखेली (सीओएएस) जनरल उपेंद्र द्विवेदी चार दिसांच्या फ्रान्स दौऱ्यावर आसात.आयज ते पॅरिसातल्या लेस इनव्हॅलिडेसात वरिष्ठ फ्रेंच लष्करी नेतृत्वाक भेट दितले. दिसाची सुरुवात गार्ड ऑफ ऑनरान जातली. त्याउपरांत ते फ्रेंच लष्करमुखेली जनरल पियरे शिल हांचेकडेन चर्चा करतले. दोन्हूंय देशांमदले लष्करी संबंध आनीक घटमूट करप हो ह्या बसकेचे मुखेल हेत आसा. फाल्या मंगळारा, जनरल द्विवेदी मार्सेलीक वतले. थंय ते फ्रेंच सैन्याच्या तिसऱ्या डिव्हीजनाक भेट दितले जिथे. तिसऱ्या डिव्हीजनचे मुखेल ध्येय आनी भूमिका, द्विपक्षीय लष्करी सराव शक्त, भारत-फ्रान्स प्रशिक्षण सहकार्य आनी फ्रेंच सैन्याची आधुनिकीकरण कार्यावळ - स्कॉर्पियनविशी माहिती दितले. ब्रेस्तारा, लष्करमुखेली पयल्या महाझूंजात वाटेकार जाल्या शहीद भारतीय सैनिकांक आर्गा ओपपाखातीर न्यूव्ह चॅपेल इंडियन वॉर मेमोरियलाक भेट दितले. नंतर, जनरल द्विवेदी फ्रान्सातल्या जॉइंट स्टाफ कॉलेज इकोले डी गुएरेत आधुनिक झूजाचे विकसित जायत आशिल्ले स्वरूप आनी आनी भारताची रणनिती नदर हांचेर व्याख्यान दितले.

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दनपारां सावन दोन दिसांच्या आसामाचे भोंवडेर आसतले . हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री आयज गुवाहाटींत जावपी झुमोईर बिनांदिनी

कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात. फाल्यां 'ॲडव्हांटेज आसाम 2.0 गुंतवणूक आनी संध्यानसुविधा शिखर सभेचे ' उक्तावण करतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयतारा मध्य प्रदेशांतल्यान भाजपाचे आमदार, खासदार आनी आपल्या पक्षाच्या मुखेल कार्यकर्त्यां कडेन मेजवानी वेळार संवाद सादलो अशें पक्ष फुडाऱ्यान सांगलें.हांगाच्या कुशभाऊ ठाकरे सभाघरांत सांजवेळा 6 वरांचे सुमाराक बसका सुरू जाली अशें भाजपाच्या वरिश्ठ फुडाऱ्यान सांगलें.मुखेलमंत्री मोहन यादव, उपमुखेलमंत्री राजेंद्र शुक्ल आनी जगदीश देवदा, आनी राज्य भाजपा मुखेल व्हीडी शर्मा हांचे वांगडा माचयेर बसून थंयच्यान तांचे कडेन उलयले अशें तांणी सांगलें.163 भाजपाचे आमदार, 37 लोकसभा आनी राज्यसभा सयत 200 परस चड भौशीक प्रतिनिधी वांगडी आनी कांय वरिश्ठ पक्ष फुडारी, कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले अशें तांणी सांगलें.फाटल्या वर्सा प्रधानमंत्र्यांची ओडिशाची राजधानी भुवनेश्वरांत अशीच बसका जाल्ली आनी ताणी भाजपा आमदारांच्या कडेन संवाद सादलो.हाचे आदीं प्रधानमंत्र्यांनी छतरपूरांत क्राक हॉस्पिटल आसपावीत आशिल्ल्या श्री बागेश्वर मेडिकल सायन्सेस आनी रिसर्च इन्स्टिट्यूट खातीर बुन्यादी फातर बसयलो

---

---

जम्मू-काश्मीरांत 3 मार्चाक अर्थसंकल्पीय अधिवेशन सुरू जावचे पयलीं जम्मू-कश्मीर विधानसभेचे अध्यक्ष अब्दुल रहीम राथेरान हाणी 43 दिसांचें अधिवेशन सुचारूपणान चलचें महूणून 27 फेब्रुवारीक सर्वपक्षीय बसका आपयल्या . जम्मूच्या विधानसभा संकुलांत जावपी बसके खातीर सभापतीन राष्ट्रीय परिशद, भारतीय जंता पार्टी, पीपल्स डेमोक्रेटिक पार्टी, पीपल्स परिशद हांच्या फुडाऱ्यांक आपयल्यात अशें कळयलां. सभापतीन विधीमंडळ पक्षांच्या फुडाऱ्यांक हे बसके खातीर आपयल्यात.भाजपा आपल्या घोशणापत्रांत शासन आनी वचनबद्धताय हांच्या प्रस्नांचेर सरकाराक विचारतली जाल्यार पीडीपी आनी पीपल्स कॉन्फरन्स सारक्या काश्मीरांतल्या विरोधी पक्षांनी कलम 370, सोऱ्याची विक्री आनी सेवन बंदी आनी हेर प्रस्न मांडपाची शक्यताय आसा. पीपल्स कॉन्फरन्साचे अध्यक्ष सजाद गनी लोन हांणी 5 ऑगस्ट 2019 दिसा घेतिल्ल्या निर्णयांचो निशेध करपाचो आनी कलम 370 ची पुनर्स्थापना करपाचो थाराव सादर केला .पीडीपीचे आमदार मीर मुहंमद फयाज, एनसीचे आमदार अहसान परदेसी आनी एआयपीचे आमदार शेख

खुर्शीद अहमद हांणी जम्मू-कठेंतल्या सोऱ्याच्या विक्री आनी सेवनाचेर बंदी घालपा खातीर वेगवेगळे विधेयक सादर केल्यात.

केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी नवी दिल्लींत मालदीवचे भलायकी मंत्री अब्दुल्ला नाझीम इब्राहिम हांची भेट घेतली. सोशल मिडिया पोस्टांत मंत्री  नड्डा हांणी बसके वेळार दोनूय वटांनी भलायकी क्षेत्रांत खास करून भलायकी वेवसायिकांक, डिजिटल भलायकी, वखदां आनी मानसीक भलायकी हांच्या क्षमता निर्माण करपाक आनी प्रशिक्षण आदार दिवपाक संलग्नताय घटमूट करपाचें म्हत्व  ताणी सांगलें.

---

छत्तीसगढ राज्य विधानसभेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाची सुरवात आयज राज्यपाल रमेन डेकाच्या रुढी प्रमाण मार्गदर्शनन  जातली. अर्थमंत्री ओ.पी.चौधरी फुडल्या म्हयन्याच्या तिसऱ्या दिसा फुडल्या अर्थीक वर्साचें अर्थसंकल्प सादर करतले. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत 17 बसका जावपाची आसा आनी ती 21 मार्चाक सोंपता.

---

आयसीसी चॅम्पियन्स ट्रॉफी क्रिकेट सर्तीत काल दुबयत जाल्ल्या  अ गटातल्या खेळात भारतान पाकिस्तान पंगडाक स गड्यानी हारयले. कुरुबावलो जिंकून पयली फलंदाजी करपाचो निर्णय घेतल्या उपरांत, पाकिस्तानचो डाव २४१ धावंड्यांत सोपलो. सौद शकील हांणे सगळ्यांत चड ६२ धावंड्यो केल्यो. भारताच्या कुलदीप यादवान ३ तर हार्दिक पांड्यान २ गडे बाद केले. उपरांत चेस मास्टर आनी रन मशीन विराट कोहलीचो नाबाद शेकडो, श्रेयस अय्यरच्यो ५६ आनी शुभमन गिल हांणी दिल्ल्या ४६ धावंड्यांच्या योगदानाक लागून भारताक पाकिस्तानान दिल्ले मोख हुंपपाक सोपे जाले